प्रादेशिक खबरो

03.10.2025 @ ७.२५ am

' पत्थर पायातील ' हे महान व्यक्तीच्या चारीत्राचेर आधारित पुस्तकाचे प्रकाशन मुखेल मंत्री प्रमोद सावंत हाच्या हस्तुकी जाले संघशताब्दीच्या निम्तान जाल्या ह्या प्रकाशन सुवाळयाक , केरळचे राज्यपाल राजेंद्र आर्लेकर, हिंदुस्थान प्रकाशन संस्थेचे अध्यक्ष रमेश पतंगे, ज्येष्ठ प्रचारक रत्नाकर पाटील, उदय जोगळेकर, नरेंद्र सावईकर आणि हेर मानेस्त उपस्थित आशील्ले. राष्ट्रनिर्मितीच्या कार्यात निस्वार्थ तपश्चर्या केल्या शंभर महान प्रचारकांक मानवंदना दिवपी 'पत्थर पायातील' हे पुस्तक आसा. ही चरित्रगाथा म्हणजे राष्ट्रसेवेचे तेजस्वी दीपस्तंभ, मूल्यांचे दायज आणि संघटनशक्तीचे प्रतीक आसा. संघान आमका शिकयले कि स्वतःखातीर न्हय तर, राष्ट्राखातीर जगप . आज ज्या समाज आनी राष्ट्ररचनेचो भव्य शिखर आमी पळयतां , त्या पायातल्या फात्रांची ही काणी आसा. अशे ह्या वेळार उलयताना पद्मश्री पुरस्कारान भौमानीत ज्येष्ठ लेखक, विचारवंत आणि सामाजिक कार्यकर्ते तशेच हिंदुस्थान प्रकाशन संस्थेचे अध्यक्ष रमेश पतंगे हाणी सांगले. सगळ्या स्वयंसेवक, आणि तरणांट्यांनी हे पुस्तक वाचचेच कारण ते आगामी पिळगया खातीर प्रेरणेचो दीवो थारतलो हाची खात्री आसा अशे मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी उलयताना म्हणले

सहकार वाठारांत उल्लेखनीय वावर करून सहकारी चळवळींत म्हत्वाचें योगदान दिवपी व्यक्ती आनी सहकारी संस्थांचो भोवमान करपा खातीर गोंय सरकारान 'गोवा राज्य सहकारी पुरस्कार 2025' खातीर अर्ज मागयल्यात. हे पुरस्कार गोंय राज्य सहकारी पुरस्कार आनी सहाय्य येवजणे खाला दितले, ह्या पुरस्कारांत 'गोवा सहकार रत्न' 'गोवा सहकार भूषण' 'गोवा सहकार श्री' राज्यांतली उत्कृश्ट सहकारी संस्था प्रोत्साहन पुरस्कार आनी सहकार वाठारातल्या ५० व्यक्तींक मजत दिवप हांचो आस्पाव आसा.

गोंय राज्य प्रदूशण नियंत्रण मंडळाचे अधिकारी/कर्मचारी आशिल्ल्याचे सांगून कांय व्यक्ती गोंयांतले उद्देग आनी आस्थापनांक मंडळा वतीन कारवाय करून तांचे उद्देग आनी आस्थांपनां बंद करपाची शिटकावणी दितात, लांच मागतात आनी लांच दिली ना जाल्यार मंडळा वतीन कारवाय जातली, अशी धमकी दितात तशेंच उद्देगांक मंडळा कडल्यान परवानगी मेळोवन दिवपाचे आस्वासन दितात आनी मंडळाच्या बँक खात्याचो नंबर आशिल्ल्याचे सांगून त्या बँक खात्यात परवानो शुल्क जमा करपाक सांगता तशेंच हे व्यक्ती मंडळाच्या लेटरहेडाचेर बनावट परवानो आदेश आनी हेर दाखलेय उद्देगांक दितात. अशें गोंय राज्य प्रदूशण नियंत्रण मंडळाच्या नदरेक आयला. मंडळान उद्देग आनी आस्थांपनांच्या मालकांक

अशां फटींग मनशां पासून सतर्क रावपाक सांगला. आनी मंडळाचे कर्मचारी आनी अधिकारी परवानो मेळोवपाक वा अधिकृत दाखले/संमती आदेश जारी करपाक अशा तरेन काम करीनात, अशें मंडळान कळीत केला.

तशेंच  लोकांनी अशा फटींग मनशांची म्हायती मंडळाक दिवची.  मजत कक्षाचो मो. नं.9356709461 चेर  संपर्क करचो तशेंच  अशा घडणूकांची कागाळ दक्षता अधिकारी, वरिश्ठ पर्यावरण अभियंता/मंडळाच्या वांगडी सचीव कार्यालय़ा कडेन करची. अशे मंडळान सांगला

कार्तिकी दुवादशी निमतान काल सांजे गोंयभर तुळशीलग्नां उत्सव सुरू जाला. ह्या उत्सवाक व्हडली दिवाळी अशेंय म्हणटांत. राज्यभरांतल्या बाजारांनी तुळशी लग्नाचे साहित्य खरेदी करपाखातीर गर्दी दिश्टी पडटाली. ऊशीकांडो, आनी हेर साहित्य जाग्यां जाग्यांचेर विकपाक थळाव्या विक्रेतांनी मांड घाल्यात  गोंयात तुलसी लग्न सुवाळो व्हडा उमेदीन तशेंच धर्मिक परंपरेन आनी श्रद्धेन मनयतात. चडश्या घरांनी तुळशीची पूजा करून मंगलाष्टकां सयत तुळशीचे लग्न लावपाची परंपरा आसा. ते उपरांत घरांतल्यो बायलो मांगल्याचे प्रतीक म्हूण तुळशी मुखार जोडवी पेटयतात. तुळशी लग्नाउपरांत मागीर पंचागातलो शुभ मूर्त फाल्यासावन लग्न समारंभ लेगीत अधिकृतपणान सुरू जातले

भारतीय बायलांच्या क्रिकेट पंगडान काल रातीं नवी मुंबयंत दक्षिण आफ्रिकेक 52 धांवड्यांनी हारोवन पयलेच खेपे आयसीसी बायलांचो एकदिसाचो क्रीकेट विश्वचषक जिखलो. दक्षिण आफ्रिकेन टॉस जिखून गोलंदाजी करपाची निवड केल्या उपरांत दीप्ती शर्मा आनी शफाली वर्मा हांणी फलंदाजी आनी गोलंदाजी ह्या दोनूय प्रकारांनी बेस बरो खेळ करून भारता खातीर रोमांचक जैत मेळयलें. 299 धांवड्यांची मोख गाठताना दक्षिण आफ्रिका एका पांवड्यार लक्ष्या मेरेन पावतली अशें दिसतालें पूण दीप्ती शर्माच्या यशाक लागून नाटकीय तरेन खेळ बदद्लो आणि भारतान जैत जोडले

भारतीय हवामान विभागाच्या मतान आज ईशान्य भारत, गोवा, मध्य महाराष्ट्र आणि गुजरात हांगा पावस पडपाची शक्यताय आसा  कमाल तापमान 31.5 आणि किमान 25.6 डिग्री सेल्सियस नोंद जाला वारे वराक 40 ते 45 किमी इतले व्हावू येता ताचो वेग वाढून 55 किमी इत्लो जाव येता अशे वेधशाळेन कळीत केला